**<u>जनगणना अधिकाऱ्यांखातीर प्रशिक्षण कार्यक्रम जालो</u>**

ता. 14 फेब्रुवारी 2020

सचिवालयातल्या परिशद सभाघरात आयज जनगणना अधिकाऱ्यांखातीर प्रशिक्षण कार्यक्रम जालो. ह्या प्रशिक्षण कार्यक्रमात जिल्हाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी, उपजिल्हाधिकारी, मामलेदार आनी जोड मामलेदार सहभागी जाल्ले.

मुख्य सचिव श्री. परिमल राय हांणी प्रशिक्षण सत्रात उलयतना जनगणना महत्वाची आशिल्ल्याचे सांगून संबंदीत अधिकाऱ्यांनी ता. 16 एप्रिल ते 30 मे 2020 मेरेन जावपी जनगणनेच्या पयल्या टप्प्यात घरांची गणटी आनी एनपीआर दुरूस्तीचे काम योग्य काळजी घेवन पुर्ण करपाक सांगले. जनगणनेचे काम योग्य तरेन जावपा खातीर अधिकाऱ्यांमदी समन्वय आसपाची गरज उकतायली. जनगणनेचे सगळे काम संगणकावरवीं जातले, अशेंय तांणी सांगले.

जनगणना संचालक-गोंय प्रभारी श्री. पी. एस. रेड्डी, सचिव, उपसंचालक आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/141

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA